**पत्रकारीता आनी लिखाणांत राष्ट्र आनी समाज उबारणीचीं ताकद आसा- श्री. दिपक बांदेकर**

ता. 1 ऑगस्ट 2024

पत्रकारीता आनी लिखाणांत राष्ट्र आनी समाज उबारणीचीं ताकद आसा, पुण ह्या माध्यमांचो जबाबदारीन आनी कार्यक्षमपणान उपेग करपाची गरज आसा, अशें म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याचे संचालक श्री. दिपक बांदेकर हांणी आयज गोंय पत्रकार संघ आनी गोवा मराठी पत्रकार संघान पणजे आयोजीत लोकमान्य बाळ गंगाधर टिळक पुण्यतिथ कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे म्हूण उलयतना सांगलें.

लोकमान्य टिळकांनी देशाच्या स्वातंत्र्या खातीर व्हड योगदान दिला. तांणी लोकांमदीं एकजूट निर्माण करून स्वांतत्र्य चळवळीविशीं जागृताय करपा खातीर केसरी, मराठा सारखी वृत्तपत्रां सुरू केली, तशेंच सार्वजनीक गणेश उत्सव सुरू केलो. आयज सार्वजनीक गणेश उत्सवा सारख्या कार्यक्रमाचो उपेग समाज विकासा खातीर जावपाची गरज आसा, अशेंय श्री. बांदेकर हांणी सांगलें.

ज्येश्ट पत्रकार श्री. राजेंद्र देसाय हांणी पत्रकारीतेतलो बदल आनी छापील माध्यमांचेर समाजिक माध्यमांचो वाडटो प्रभाव ह्या विशयावयल्या चर्चेत उलयतना छापील माध्यमां महसूलाचेर चड भर दितात ही हुस्क्याची गजाल आसून लोकांक खरी बातमी दिवपाच्या पारंपरिक पत्रकारीतेच्या तत्वांकडेन तडजोड वाडत आसा, अशें सांगलें.

मानेस्तांच्या हस्तुकीं लोकमान्य टिळकांच्या फोटवाक फुलांहार घालून कार्यक्रमाक सुरवात जाली.

गोंय पत्रकार संघाचे अध्यक्ष श्री. राजतिलक नायक हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. गोवा मराठी पत्रकार संघाचे अध्यक्ष श्री. अनंत संभाजी हांचेय ह्या वेळार भाशण जालें.

श्री. विठ्ठल गावडे हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. गोवा मराठी पत्रकार संघाचे सचीव श्री. सुभाष नाईक हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/357

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.